**सांखळे त्रिपुरारी पुनव उत्सवानिमतान आयोजीत नौकानयन सर्तीचो निकाल जाहीर**

ता. 11 नोव्हेंबर 2022

कला आनी संस्कृती संचालनालयान त्रिपुरारी पुनव उत्सवानिमतान विठ्ठलापूर सांखळी हांगा वाळवंटी न्हंयत पर्यटन खाते, पर्यटन विकास म्हामंडळ, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते, दिपावली उत्सव समिती आनी श्री विठ्ठल देवस्थान समिती हांच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या नौकानयन सर्तीचो निकाल जाहीर केला.

सर्तीचो निकाल- पयले इनाम- तळखांबेश्वर, पर्ये हांका घोळटो चषक, रोख रू. 35,000/- आनी प्रशस्तीपत्र, दुसरे इनाम- कलयुगी बॉयस्, विठ्ठलापूर हांका घोळटो चषक, रोख रू. 30,000/- आनी प्रशस्तीपत्र, तिसरे इनाम- भुमी बॉयस्, पर्ये हांका घोळटो चषक, रोख रू. 25,000/- आनी प्रशस्तीपत्र, चौथे इनाम- एन. सी. ग्रुप, विठ्ठलापूर हांका रोख रू. 20,000/- आनी प्रशस्तीपत्र आनी पाचवे इनाम- वोव्हरलोड, पर्ये हांका रोख रू. 15,000/- आनी प्रशस्तीपत्र फावो जाला.

उमेद वाडोवपी इनामां- सारंग, होंडा, भुतनाथ बॉयस्, आमोणा, सिक्स ब्रदर्स, पर्ये, त्रिपुरांतक, विठ्ठलापूर आनी युनिक बॉयस्, पर्ये हांका प्रत्येकी रोख रू. 8,000/- आनी प्रशस्तीपत्र फावो जाला.

अवतारे, पर्ये, शिवाजी गडेकर, पेडणे, श्रेयश गडेकर, पर्ये, शिवनेरी, जय भवानी, पर्ये, राजवाडा बॉयस्, जलयान, विठ्ठलापूर, थर्ड आयस्, आमोणा, श्यामपुरूष बॉयस्, दिवचल, डॅर डॅव्हिल्स, विठ्ठलापूर हांका प्रत्येकी 5000/- रूपयांचे मानधन जाहीर केला.

श्री. सागर गावडे, श्री. गोपाळ कुडासकर आनी गोंय कला महाविद्यालयाचे असिस्टंट प्रोफेसर राजेश चोडणकर हांणी सर्तीचे परिक्षण केले.

सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटोवपाचो कार्यक्रम उपरांत आयोजीत करपात येतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/700

--

Issued by

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji